7th July 2025 7.25am

Monsoon Session – 120

गोय विधानसभेच्या पावसाळी अधिवेशनाचें कामकाज थारावपा खातीर कामकाज सल्लागार समितीची बसका मंगळारा 8 जुलयाक सांजे विधानसभेत जातली. पावसाळी अधिवेशन 21 जुलय ते 8 ऑगस्ट मजगतीं जातलें. सभापती रमेश तवडकार हांचे अध्यक्षते खाला बसका जातली, अशी म्हायती विधानसभा सचिव नम्रता उल्मन हांणी दिली.ही बसका आज जावपाची आसली. मात ती निमण्या वेळार फुडें धुकल्ली, अशी माहिती विधानसभा सचिव नम्रता उल्मन हांणी दिली. अधिवेशना खातीर आमदारां कडल्यान प्रस्न स्विकारपाक सुरवात जाल्या. 15 जुलय मेरेन अधिवेशना खातीर प्रस्न स्विकारतले. अधिवेशना खातीर येवपी सरकारी विधेयकां आजूनय निश्चीत जावपाचीं आसात. अधिवेशन 15 दिसांचें आसतलें. शुक्रारचो दीस हो खासगी कामकाजाचो दीस आसतलो. अधिवेशन आदले प्रमाणे सकाळीं 11.30 वरांचेर सुरू जातलें.  दनपार मेरेन चर्चा आनी खात्यांच्या मागण्यांक मंजुरी मेळटली, अशी म्हायती विधानसभा सचिव नम्रता उल्मन हांणी दिली.

Coop - 180

तरणाट्या पिळगेक सहकारी क्षेत्रांत प्रवेश मेळोवपाक आनी सहकारी कायद्याक पाळो दिवपाक गोंयांत आनी देशांत फावो तें पोषक वातावरण आसा अशें सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी सांगलें. सहकार मंत्रालयाच्या चवथ्या स्थापणूक दिसाचो कार्यक्रम गोंय सरकाराच्या सहकार खात्यान फोंडाच्या राजीव गांधी कला मंदिरांत आयोजीत केलो. ह्या कार्यावळींत सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकर मुखेल सोयरो म्हूण हाजीर आशिल्ले. तांणी गोंयांत सहकारी गांव तयार करपाची गरज आसा अशें म्हळें. ह्या क्षेत्रांत काम करपी लोकांनी आपलीं वचनबद्धताय पाळप गरजेचें अशें तांणी सांगलें. भारत उदरगतीच्या मार्गाचेर आशिल्ल्यान सहकारी क्षेत्राचें म्हत्वाचें योगदान आसतलें अशें तांणी मुखार सांगलें.  ह्या वेळार सहकारी खात्याचे सहकार निबंधक आशुतोष आपटे, मुखेल वक्ते सतीश मराठे, सहकार सचीव यतींद्र मराळकार, प्रवासी भारतीय आयुक्त नरेंद्र सावाईकर आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले माचयेर हाजीर आशिल्ले. ह्या का्यक्रमाक सहकार निबंधक आशुतोष आप्टे हांणी येवकार दिलो. सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी सहकार खात्याच्या ऑनलायन सेवांचें उक्तावण केलें. सहकार क्षेत्र खूब व्हड आसून, भारताचे अर्थवेवस्थेंत सहकार क्षेत्राचो सुमार 30 टक्के वांटो आसा अशे तांनी सांगले . सहकार संस्था ही एक चळवळ आसून देशाचे उदरगतींत तांचो व्हड योगदान आसा. ह्या वेळार आयएएस अधिकारी आनी सहकारी सचीव यतींद्र मराळकार हांचे उलोवप जाले.

NFSU – 120

नॅशनल फॉरेन्सिक सायन्सेस युनिव्हर्सिटी (एनएफएसयू), गोवा कॅम्पस 7 जुलय ते 11 जुलय 2025 मेरेन आयकर विभागाच्या तपास संचालनालय, येणावळ कर खात्या खातीर डिजिटल न्यायशास्त्राचेर 5 दिसांचो प्रतिश्ठीत प्रशिक्षण कार्यावळ घडोवन हाडटले. ह्या ऑफलायन प्रशिक्षणाचे हेतू तपास अधिकाऱ्यांक डिजिटल न्यायालयीन विज्ञानांत - अर्थीक गुन्यांवांचे चडांत चड म्हत्वाचे घटक - नवीनतम साधनां आनी तंत्रज्ञान सज्ज करपाचो अंमलबजावणी करप जावन आसा. ह्या कार्यावळीचें उक्तावण केंद्रीय प्रत्यक्ष कर मंडळाचे मानादीक अध्यक्ष  रवी अग्रवाल , आयकर (तपास) महासंचालक डॉ.नरेंद्र कुमार; आयकर (तपास) मुखेल संचालक  राहुल गर्ग,  आनी कॅम्पस संचालक, एनएफएसयू गोंय प्रा.डॉ नवीन कुमार चौधरी करतले.

प्रशिक्षणत डिजिटल पुरावो हाताळणी, ब्लॉकचेन आनी क्रिप्टोकरंसी ट्रॅकिंग, मोबायल आनी संगणक न्यायालयीन, विश्लेशण, डार्क वेब तपास आनी अर्थीक फटवणूक सोदून काडपाक एआयचो वापर अशे प्रगत मॉड्यूल आसपावीत आसात.

Ekadashi - 100

गोयचे पंढरपूर म्हूण फामाद आशिल्ल्या विठ्ठलापूर साखळी हांगासरल्या श्री विठ्ठल मंदिरात आषाढी एकादशीची कार्यावळ वडा उमेदिन आनी  धार्मिक कार्यावळीनी मनोवपात आयली. या निमित्तान श्री विठ्ठल मंदिरात सकाळसावन अभिषेक करपाची संद भावीकांक मेळ्ळी. गोंयच्या विंगड विंगड भागांतल्यान वारकरी मंडळींची वारी श्री विठ्ठल मंदिरात आयली .हातून दिवचल, मुळगाव ,पिळगाव , मापसा ,अस्नोडे, कारापूर आमोणा हांगासावन वारी आयली . मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत त्यांची घरकान सुलक्षणा सावंत, मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट  हाणीं विठ्ठल मंदिरात येवन अभिषेक आणि देवाची पूजा केली.

Weather – 40

भारतीय हवामान खात्यान आयज कोंकण, गोंयातल्या कांय वाठारांनी गडगड आनी जोगला मारून घोग्यांनी  पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. गोय वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण  राज्यांत आज  चंडांत चड तापमान ३१ डीग्रीस  celcius जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 26  डीग्रीस  celcius इतले आसतले.